# जीसीईटी निकाल जाहीर

ता. 15 मे 2017
25 वैशाख 1939

तांत्रिकी शिक्षण संचालनालयान घेतलेल्या जीसीईटी (गोंय समान प्रवेश परीक्षा) चो निकाल आयज जाहीर केलो.

एमबीबीएस. बीडीएस, बीएचएमएस आनी बीएएमएस अभ्यासक्रमाखातीर सीबीएसई न घेतलेल्या एनईईटी (निट) परीक्षेच्या आदाराचेर प्रवेश दितले.

राज्यात 15 केंद्राचेर जीसीईटी परीक्षा आयोजित केल्ली. भौतिकशास्त्र, रसायनशास्त्र, गणित आनी जीवशास्त्र विशयात घेतलेल्या 2017 च्या परीक्षेक वट्ट 5116 उमेदवार बशिल्ले. ओआरएस इलेक्ट्रॉनिक तंत्राचो वापर करून परीक्षेचे मुल्यांकन केला आनी परीक्षा आनी निकाल तयार करपाखातीर आयआयटी मुंबयेचे सहकार्य घेतला.

तांत्रिकी शिक्षण संचालनालयाच्या ु.वींशसेर.सेर.सीं.ळप हया संकेत थळाचेर तशेच संचालनलयाच्या नोटिस बोर्डाचेर निकाल उपलब्ध आसा.

उमेदवारांनी वेवसायिक पदवी अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर प्रवेश अर्ज (बी/ बी 1/बी 2) भरून सगळया आवश्यक दाखल्यांच्या स्वतः प्रमाणित प्रतिसयत सुपूर्द करचे. अर्ज तांत्रिकी शिक्षण संचालनालय, पर्वरी आनी रविंद्र भवन, मडगाव हांगा स्वीकारतले.

ज्या विद्यार्थ्यांनी गोवा बोर्ड सोडून हेर बोर्डाची परीक्षा दिल्या आनी 26 मे 2017 मेरेन निकाल जाहीर जावक ना अशा विद्यार्थ्यांनी 26 मे 2017 मेरेन प्रवेश अर्ज भरपाक जाय आनी निकाल जाहीर जाले बरोबर तो सुपूर्द करपाक जाय.

एनईईटी/एनएटीए परीक्षेचो निकाल जाहीर जाव वा ना जाव उमेदवारांनी 26 मे 2017 मेरेन बी 1आनी बी 2 अर्ज भरपाक जाय आनी निकाल जाहीर जाले बरोबर तो सुपूर्द करपाक जाय.